**आधर क्रमांकाचें बीजन (सीडिंग) करपा खातीर, आधार फारीकणी वेव्हार पद्दत सक्षम करपा खातीर आनी एचडीएफसी बँकेंतल्या नव्या बँक खात्यांत / अस्तित्वांतल्या बँक खात्यांत थेट लाव अंतरण (डीबीटी) प्राप्त करपाखातीर अर्ज - (एनपीसीआय मॅपिंग)***

प्रति,
फांटो वेवस्थापक,
एचडीएफसी बँक लिमिटेड, ___________________________ फांटो.

भोवमानेस्त,

विशय: **एचडीएफसी बँक, _______________ फांटो हांगच्या नव्या बँक खात्यांत / अस्तित्वांतल्या बँक खात्यांत थेट लाव अंतरण (डीबीटी) प्राप्त करपा खातीर आधार क्रमांकाचें बीजन (सीडिंग)**

(1) भारतीय एकत्रीकृत निधी वा राज्य एकत्रीकृत निधी हांचेकडल्यान अनुदानीत कल्याणकारी येवजणींखातीरच्या म्हज्या अधिकृत अनुदानाचो लाव प्राप्त करपाची म्हजी इत्सा आसा.

(2) म्हज्या अनुदानाचो अधिकृत लाव (वयर मुद्दो क्र. 1 हांगा उल्लेख केल्ल्याप्रमाण) प्राप्त करपाखातीर सकयल वेंचिल्ल्या एचडीएफसी खात्यांत म्हज्या आधार क्रमांकाचें बीजन (सीडिंग) करपाची म्हजी इत्सा आसा ***(खंयच्याय एकाचेर कुरू करात):***

☐ **नवें बँक खातें** - एचडीएफसी बँकेच्या _____________________________ फांट्यांत एक नवें बँक खातें उगडपाची म्हजी इत्सा आसा.

☐ **अस्तित्वांतलें बँक खातें** - हांव एचडीएफसी बँकेवांगडा एक बचत खातें राखून आसा.

| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| खातें क्रमांक | : | | | | | | | | | | | | | | | गिरायक वळख (आयडी) | : | | | | | | | | |

(3) एचडीएफसी बँकेन केवायसी हेताखातर म्हाका पर्यायी मार्ग दिल्ले आसात, ज्यांतूंत आधारा व्यतिरिक्त हेर अधिकृतपणान वैध दस्तावेज सादर करून भौतीक केवायसी करपाचो आसपाव आसा. पुण, वयर मुद्दो क्र. (1) आनी (2) हांतूंत उल्लेख केल्ल्याप्रमाण, म्हाका म्हज्या अनुदानाचो अधिकृत लाव, म्हळ्यार थेट लाव अंतरण (डीबीटी) म्हज्या खात्यांत प्राप्त करपाची इत्सा आसल्या कारणान, हांवें आपखोशयेन आधाराच्या बुन्यादीवयलें केवायसी वा ई-केवायसी वा ऑफलायन सत्यापन वेंचला आनी बँकेक म्हजो आधार क्रमांक, आभासी वळख, ई-आधार, एक्सएमएल, लिपयिल्लो (मास्क्ड) आधार, आधार तपशील, गिरायक माहिती, वळखीची माहिती, आधार नोंदणीकृत मोबायल क्रमांक, चेऱ्याच्या प्रमाणनाचे तपशील आनी/वा जीवमिती (बायोमॅट्रिक) माहिती (एकत्रीतपणान, "**माहिती**").

(4) लागू कायद्याप्रमाण म्हजी वळख पटोवप, ऑफलायन सत्यापन वा ई-केवायसी वा हय/ना प्रमाणन, गिरायक वा हेर प्रमाणन/ सत्यापन/ वळख पटोवप हें करपाखातीर, हांव बँकेक (आनी तांच्या सेवा पुरवणकर्त्यांक) अधिकृत करता आनी म्हजी संमती दिता.

(5) उपरोक्त हेतांखातर, हांव आपखोशयेन आनी म्हज्या स्वताच्या विवेकाधिकारांत, भारत सरकारान जारी केल्याप्रमाण म्हजो आधार क्रमांक हांव एचडीएफसी बँकेक सादर करता आनी म्हज्या आधार क्रमांकाचें बीजन (सीडिंग) म्हज्या खात्यांत करपाक (वयर मुद्दो क्र. 2 मदीं उल्लेख केल्याप्रमाण) आनी यूआयडीएआय लागीं प्रमाणनाखातीर म्हजे आधार तपशील वापरपाक हांव आपखोशयेन म्हजी संमती दिता.

| | | | | | | | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| आधार क्रमांक | : | | | | | | | | | | | | |

(6) **आधार क्रमांकाचें बीजन करपाखातीर आनी थेट लाव अंतरण (डीबीटी) एचडीएफसी बँक खात्यांत प्राप्त करपाखातीर पर्याय *(खंयच्याय एकाचेर कुरू करात):***

☐ **म्हजो आधार क्रमांक खंयच्याय बँकेवांगडा बीजन केल्लो ना:** भारत सरकारा (जीओआय) कडल्यान एलपीजी अनुदानासयत हेर डीबीटी म्हज्या एचडीएफसी बँकेंतल्या खात्यांत प्राप्त करपाक म्हाका सक्षम करपाखातीर, म्हाका म्हज्या आधार क्रमांकाचें म्हज्या बँक खात्यावांगडा आनी एनपीसीआय मॅपरा वांगडा बीजन करपाचें आसा. हांव समजतां की जर एकापरस अदीक लाव अंतरण म्हाका देय आसत, जाल्यार ते सगले लाव अंतरण म्हाका त्याच खात्यांत मेळटले.

□ **म्हजो आधार क्रमांक पयलींच दुसऱ्या बँकेवांगडा बीजन केल्लो आसा:** पयलींसावनच, आयआयएन क्रमांक** _______________ आशिल्लें आनी जीओआय कडल्यान डीबीटी प्राप्त करपाखातीर एनपीसीआय मॅपरावांगडा बीजन केल्लें म्हजें _____________________________________ (बँकेचें नांव) वांगडा एक खातें आसा. **म्हजें डीबीटी लाव खातें (एनपीसीआय मॅपिंग) बदलून तुमच्या बँकेच्या ________________________ फांट्या वांगडच्या म्हज्या बँक खात्याकडेन करचे, अशी हांव तुमकां विनवणी करता.**

(7) संमती, आधार घेवपाचो हेतू आनी यूआयडीएआयच्या प्रमाणना उपरांत वांटून घेवपाक येता त्या माहितीचें स्वरूप (आधार तपशील) हांचेविशीं म्हाका थळाव्या भाशेंत समजावन सांगिल्लें आसा. म्हजी अशी समजूत करून दिल्ली आसा की हाचेवांगडा बँकेक सादर केल्ली म्हजी माहिती उपरोक्तांपरस हेर खंयच्याय हेतांखातर, वा कायद्याच्या गरजांभायर वापरचे नात.

(8) एचडीएफसी बँकेन म्हाका सुचीत केला की म्हजी जीवमिती संग्रहीत करून दवरचे नात/ वांटून घेवचे नात आनी; आधार तपशील सेंट्रल आयडेंटिटीज डेटा रिपॉझिटरी (सीआयडीआर) हांचेकडेन फकत प्रमाणनाच्या हेताखातीर आनी उपरोक्त हेताखातीर सादर करतले. एचडीएफसी बँकेन म्हाका सुचीत केला की ही संमती आनी म्हजो आधार क्रमांक, म्हज्या खातें तपशीलावांगडा, लागू कायद्याप्रमाण, बँकेंत संग्रहीत करून दवरतले.

(9) आधार सक्षमीत फारीक प्रणाली (एईपीएस) उलाढाल सेवांखातीर म्हजें खातें सक्षम करपाखातीर (वयर मुद्दो क्र. 2 हांगा उल्लेख केल्याप्रमाण) हांव बँकेक अधिकृत करता.

(10) म्हज्या आधार नोंदणीकृत मोबायल क्रमांकाचेर प्राप्त जाल्लो ओटीपी वापरून हांवें ई-आधार दस्तावेज स्वताच डावनलोड केला.

(11) ही माहिती आनी प्रमाणन डेटा आनी नोंदी लागू कायद्या अंतर्गत आवश्यक आसल्याप्रमाण वा उपरोक्त हेतांखातीर वा एचडीएफसी बँकेच्या अंतर्गत गरजांप्रमाण घेवपाक, उक्तावपाक, वांटून घेवपाक, राखून दवरपाक आनी वापरपाक हाचेवरवीं हांव एचडीएफसी बँकेक अधिकृत करता आनी संमती दिता.

(12) हांव हाचेवरवीं घोशीत करता की हांवें पुरवण केल्ली सगली माहिती सत, अचूक आनी संपूर्ण आसा. जर आधार नेमाप्रमाण नासल्याचें कळ्ळ्यार वा हांवें पुरवण केल्ल्या खंयच्याय चुकीच्या माहितीच्या बाबतींत हांव एचडीएफसी बँक वा तिचे खंयचेय अधिकारी हांका जापसालदार थारावचे/चो ना.

भवदीय,

______________________

(आधार क्रमांक धारकाचें / आधार क्रमांक धारक अल्पवयीन आसल्यार आवयचें वा बापायचें वा पालकाचें हस्ताक्षर वा आंगठ्याचो ठसो)

**एनपीसीआय (नॅशनल पेमेंट्स कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया) मॅपिंग: ही एक अशी प्रक्रिया आसा, जिचेवरवीं बँकेचें नांव/ आयआयएन आनी गिरायकाचो आधार क्रमांक, डीबीटी/ अनुदान प्राप्त करपाक गिरायकाचें बँक खातें सक्षम करपाखातीर एमपीसीआय मॅपरांत अद्ययावत जाता.*

***आयआयएन (इश्युअर आयडेंडिफिकेशन नंबर) हो बँकांची वळख पटोवपाखातीर वापरिल्लो एक क्रमांक आसा आनी जो आदल्या बँकेच्या तपशीलांच्या बुन्यादीचेर, म्हळ्यार "बँकेचें नांव", गिरायकाकडल्यान अर्ज प्राप्त करपी बँकेकडल्यान अद्ययावत जातलो.*